प्रादेशिक खबरो 17.06.2025 @ 7.20 pm

मुखेल खबरो

गोंयचे राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय क्रांती दिसाचे पूर्वसंध्येर गोंयच्या जनतेक परबीं दिल्या

राज्यांत खण उद्देग सुरू करतना शेतकारांचे हित आनी पर्यावणाचो सांबाळ करपा वांगडाच थळाव्या लोकांक रोजगार उपलब्ध करून दिवपा खातीर कुशळटाय विकासाचेर भर दितले अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत आनी म्हणला

भारतीय तटरक्षक दळा खातीर गोवा शिपयार्ड लिमिटेडन बंदिलल्या अचल या पाचव्या जलद गस्ती जहाजाचे गोयात जलावतरण जाले.

पणजी वेधशाळे प्रमाण फुडले चार दिस खुपशा वाठारानी पावस पडू येता

DIP 180

गोंयचे राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय क्रांती दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपालानी आपल्या संदेशात म्हणला की “18 जूनाच्या गोंय क्रांती दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगार हांव गोंयच्या सगळ्या लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता.गोंय क्रांती दीस हो गोंयच्या इतिहासातलो एक म्हत्वाचो दीस आसा नी पोर्तुगीजच्या सत्तेतल्यान आपल्या मायभुंयेक मुक्त करपा खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ले हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाचो उगडास करपाक दर वर्सा आमी 18 जूनाक हो दीस मनयतात.18 जून 1946 दिसाची मडगांव शारांतली सांज गोंय स्वातंत्र्य चळवळीच्या इतिहासातलो विसरूंक शकना असो दीस आसा. हयाच दिसा स्वातंत्र्य चळवळीतले म्हान फुडारी डॉ. राम मनोहर लोहिया आनी डॉ. ज्युलियाव मिनेझिस हांणी सालाझार हुकूमशाय सत्तेआड नागरी आज्ञाभंग चळवळ सुरू केली. हे दोन मनीस क्राती सुरू करपा खातीर जापसालदार आशिल्लें. 18 जून 1946 दिसा तांणी मडगांवा गोंयांक पोर्तुगीजच्या सत्तेतल्यान मुक्त करपाची ज्योत पेटयली आनी निमाणे 19

डिसेंबर 1961 दिसा गोंय परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जालें. आयच्या ह्या उगडासाच्या दिसा आमी सगळ हुतात्मे, स्वातंत्र्य सैनिक आनी फुडाऱ्यांक आदरान नमन करूया, जांच्या धाडसाक लागून गोंय भारताचो भाग जालो आनी आपलो फुडार निश्चीत केलो.आज आमी आमच्या भारत देशाक आनी गोंय राज्याक विकसीत भारत, विकसीत गोंय, 2047 मार्गार व्हरपाक स्वता समर्पित जावया, अशें राज्यपालानी म्हणला

DIP 140

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय क्रांती दिसाचे पूर्वसंध्येर गोंयच्या जनतेक परबीं दिल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात गोंय मुक्ती चळवळीच्या इतिहासत गोंय क्रांती दिसाक खास म्हत्व आसा. आशे म्हणला. 18 जून 1946 दिसा गोंयकारांनी पोर्तुगीजांच्या सत्तेआड उकतेपणी बंड सुरू केले . ह्याच दिसा राष्ट्रवादी फुडारी आनी स्वातंत्र्य सैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया आनी डॉ. ज्युलियो मिनेझिस हांणी आपल्या भाशणातल्यान गोंयच्या लोकांक पोर्तुगीज सत्तेआड लडपाचो उलो मारलो. मडगांवच्या आताच्या लोहिया मैदाना वयल्यान तांणी मारिल्ल्या उल्यान गोंयकारांच्या काळजात गोंय मुक्तिखातीर झगडपाची कीट पेटली आनी निमाणे 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय पोर्तुगीज राजवटीतल्यान मुक्त जालें.

गोंय मुक्ती चळवळीत हजारांनी गोंयकारांनी आपखोशेन वाटो घेतलो. तांकां व्हड त्याग करचो पडलो आनी अनेक कश्ट भोगचे पडले. गोंय मुक्तिखातीर कितलेशेच सुटके झुजारी हुतात्मे जाले. आयज गोंय मुक्ती खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या सगळ्यां हुतात्म्यांचो आनी स्वातंत्र्य सैनिकांचो उगडास करून तांकां आमी नमन करूया आनी विकसीत भारत, विकसीत गोंयांखातीर स्वता समर्पित जावया, अशें मुख्यमंत्र्यान आपल्या संदेशात म्हणला

रश्मि/ DIP 170

पर्यावरणाचो सांबाळ, शेतकार आनी थळाव्या लोकांचे हित सांबाळून शाश्वत खण उद्देग सुरू रपाक सरकाराचे प्रयत्न आसून राज्यांत खण उद्देग परत सुरू करतना सगळ्या गजालींचो विचार जातलो आनी त्या खातीर सरकार सगळ्या वेवसायिकांक विश्वासात घेतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरे खण खात्यान खण क्षेत्रांतल्या वेवसायिकांक संवेदनशील करपा खातीर गोंयांतल्या खनिजांचो सोद, आव्हाना, संदी आनी फुडाराचो मार्ग ह्या विशयाचेर आयोजीत एका दिसाच्या कार्यशाळेचे उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें. राज्यांत खण उद्देग सुरू करतना शेतकारांचे हित आनी पर्यावणाचो सांबाळ करपा खातीर येवजण आखपा वांगडाच थळाव्या लोकांक रोजगार उपलब्ध करून दिवपा खातीर कुशळटाय विकासाचेर भर दितले . गोंयच्या खनिज संपत्तीचो थळाव्या लोकांक लाव मेळोवन दिवप तितलेच म्हत्वाचे आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. गोंयच्या जैवविविधतेची हानी टाळपा खातीर खण उद्देगांनी आधुनिक तंत्रज्ञान आनी वेवसायात पारदर्शकता राखपाची गरज आसा. तशेंच प्रत्येक उपक्रमात थळाव्या लोकांचो विचार जावपाक जाय, अशेंयतांणी सांगलें. एम ई सी एलचे संचालक पंकज पांडे आनी भारत सरकारच्या खाण मंत्रालयाचे उपमहासंचालक आर. विजय कुमार हांणी कार्यशाळेत सहभागी अधिकारी आनी खण वेवसायिकांक मार्गदर्शन केले. मुख्य सचीव आनी खाण खात्याचे प्रधान सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, आयएएस हांणीय आपले विचार मांडले

रश्मि रीपीट 90

भारत सरकारान १६ वी राश्ट्रीय जनगणना करपाखातीर अधिसुचोवणी जारी केल्या. हांतुन जाती निहाय जनगणना करपाचो आसपाव करप हो महत्वाचो निर्णय जावन आसा. मार्च २०२७ सावन ही जनगणना करपाक सुरु जातली.विकसित भारत २०४७ हो महत्वाचो निर्णय थारतलो, हाका लागुन अर्थिक आनी समाजीक मळार सुदारणा करपाखातीर उपेग जावन सरकाराक नागरीकांच्या उदरगतीच्या नदरेतल्यान वेगवेगळी धोरणा आखपाक बरे जातले. विकसित भारत २०४७ करतना अंत्योदय , ग्रामोदय आनी सर्वोदय महतव दिंवन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी घेतिल्लो हो निर्णय इतिहासिक आनी महत्वाचो आसा अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत

हांणी म्हळा. जाती निहाय जनगणना करपाच्या निर्णयाचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी स्वागत केला.byte

विमान 40

विमान दुर्घटने उपरांतच्या एका महत्त्वपूर्ण अपडेटात  मरण आयिल्ले सुमार १४४ डीएनए नमुन्यांची यशस्वीरित्या वळख पटल्या. गृह राज्यमंत्री हर्ष संघवी यांनी आज सोशल मीडियार ही माहिती दिली. राज्य सरकार, केंद्रीय संस्थांच्या सहकार्यान, शोकाकुल कुटुंबांक वेळार माहिती दिवपाक फॉरेन्सिक आणि कायदेशीर औपचारिकता बेगीन करता अशे ताणी सांगले

शिपयार्ड 190

भारतीय तटरक्षक दळा खातीर गोवा शिपयार्ड लिमिटेड बांधत आशिल्या आठ जलद गस्ती जहाजांच्या मालिकेत अचल या पाचव्या जलद गस्ती जहाजाचे गोयात कविता हरबोला यांच्या हस्तुकी तटरक्षक दलाचे कमांडर अतिरिक्त  महासंचालक अनिल कुमार हरबोला यांच्या उपस्थितीत  जलावतरण जाले.या जहाजाची रचना अतिशय कडक चाचणीवरवी  अमेरिकन ब्युरो ऑफ शिपिंग आणि भारतीय नौवहन निबंधक यांच्या दुहेरी-श्रेणी प्रमाणपत्र अंतर्गत केल्या. जलद गस्ती जहाजाच्या निर्मितीत 60% परस चड स्वदेशी सामग्रीचो वापर केला.या जहाजाची लांबी 52 मीटर आणि रुंदी 8 मीटर आसा. हे जहाज सीपीपी (कंट्रोलेबल पिच प्रोपेलर) आधारित  प्रणालीन सुसज्ज आसा आणि ते चडान चड  27 नॉट्स वेग गाठू शकता. 'अचल' या जहाजाची प्रामुख्यान सुरक्षा, देखरेख, नियंत्रण आणि गस्त यासारख्या कामांखातीर आखणी  केल्या. अचलचे जलावतरण हे भारतीय तटरक्षक दल आणि गोवा शिपयार्ड लिमिटेड हांच्या मदले  दीर्घकालीन सहकार्यातलो  आनिक एक महत्त्वाचो पावडो आसा आणि संरक्षण उत्पादनात आत्मनिर्भरतेच्या दिशेन उबरीले  आनिक एक घटमुट पाऊल आसा. या प्रकल्पाचो  एकूण खर्च 473 कोटी रुपये असून रोजगाराचयो  संधी निर्माण करत आणि वेगवेगळे  कारखाने आणि

गोवा शिपयार्ड लिमिटेड मदले  उत्पादन उपक्रमांत सहभागी आशील्या सूक्ष्म, लघु आणि मध्यम उद्योगांक बळकटी दीत थळव्या उद्योगांकय व्हड चालना मेळ्ल्या .या कार्यक्रमाक, गोवा शिपयार्ड लिमिटेडचे अध्यक्ष आणि व्यवस्थापकीय संचालक ब्रजेश कुमार उपाध्याय, भारतीय नौदल, तटरक्षक दल आणि शिपयार्डचे वरिष्ठ अधिकारी यांच्यासयत  हे मानेस्त उपस्थित आशीले

DIP 95

आदिवासी गांवांतल्या मुखेल उणावाक फुडो करपा खातीर धरती आबा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान चालीक लावपा खातीर 1 जुलय 2025 दिसा बिरोंडा पंचायत, 2 जुलयक होंडा पंचायत, आनी 4 जुलयक बाती  पंचायत, सिरिदाव , हांगा आयोजीत केल्यात. सुरक्षीत घरां आनी निवळ पिवपाचें उदक, सुदारीत नितळसाण आनी भलायकी सुविधा, दर्जेदार शिक्षण आनी पोशणाची वाडट्या प्रमाणांत उपलब्धताय, विश्वासार्ह वीज पुरवण आनी नवीकरणीय उर्जा स्त्रोतांचो प्रसार, बरे रसते आनी दूरसंचार जोडणी, येवजण्यांच्या अभिसरणांतल्यान टिकावू उदरनिर्वाहाचेर ह्या शिबिरांनी भर दितले. हो यत्न विकसीत भारत दृश्टीकोन 2047 आनी समाजीक कल्याणाचे समाजीक ध्येय प्रमाण आसा, जे आदिवासी समुदायांची समावेशक उदरगत आनी उन्नतीचेर लक्ष्य केंद्रित करतात.

DIP 50

गोंयचे राज्यपालपी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी राजभवना वतीन गोविंद रामनाथ कारे कायदो म्हाविद्यालय, मडगांव आनी व्ही. एम. साळगांवकर कायदो म्हाविद्यालय, मिरामार पणजी ह्या गोंयच्या दोन कायदो म्हाविद्यालयांक ग्रंथालयांतल्या साधनसुविधांचो दर्जो वाडोवपाक आनी गोवा हायकोर्ट बार

असोसिएशनाक दर एकी 5 लाखांची अर्थिक मजत दिवपाचे जाहिर केला. ही अर्थिक मजत सर्गेस्त न्यायाधिश एच. आर. खन्ना हांच्या नावान दितले

हॉकी 35

40 वर्सां वयर दादले आनी 35 वर्सां वयर बायलां खातीर खातीर हॉकी इंडिया मास्टर्स कप फाल्यां मेयर राधाकृष्णन हॉकी स्टेडियमांत चेन्नयांत सुरू जाता. धा दिसांच्या सर्तीत फाल्यां जावपी उक्तावण मॅचींत हिमाचल प्रदेश आनी महाराष्ट्र हांचे मदी खेळ जातलो.

तापमान **40**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 32.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **26** डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता **87 %** नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस **32-26** डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस खुपशा वाठारानी पावस पडू येता